Panaji National News

30 may 2026,6.30pm

## गोंय घटक राज्य

गोंय ल्हान पूण सोबीत , गोंयची अस्मिताय ,संस्कृती,परंपरा आनी वेगळेपण सामाळुन गोय सरकारान गोंयची उदरगत करची अशे उप राश्टपती सी पी राधाकृश्णन हांणी म्हटला.40 व्या गोंय घटक राज्य दीसाच्या कार्यावळीत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्यावेळार माचेर गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु, मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ,केंद्रीय अक्षय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक,राज्यसभेचे खासदार हाजीर आशील्ले.मुळावी बांदावळ, शिक्षण, भलायकी, डिजिटल गव्हर्नन्स ह्या मळार गोंयान उल्लेखनीय कामगिरी केल्या. हांगाची गोंय कर्मचारी निवड आयोगावतीन केल्ली पारदर्शक नोकर भरती प्रक्रिया तोखणायेची आसा. स्वताची अस्मिताय तिगोवन दवरून उदरगत साध्य जाता हें गोंयान दाखोवन दिलां. गोंयान निळया अर्थवेवस्थेंत, टिकावू उदरगतींत देशाचें फुडारपण करचें अशे उप राश्टपती सी पी राधाकृश्णन हांणी म्हणला.

## लष्करमुखेली

लष्करमुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी हाणी आयज सांगला की, भारतीय सशस्त्र दल उचा ऑपरेशनल अलर्टचेर आसून परिस्थिती प्रमाण फुडल्या लष्करी कारवाईची गरज पडल्यार ऑपरेशन सिंदूर २.० खातीरुय सज्ज आसा..पुण्यातल्या खडकवास हान्गच्या राष्ट्रीय संरक्षण अकादमीच्या १५० व्या पासिंग आऊट परेडिक ते संबोधित करताल्ये.

## शिवराज सिंह चौहान

केंद्रीय कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी आयज सांगला की, 'खेत बचाव अभियान' ही शेती, शेतकरी आणि गावांक जोडपी एक व्यापक राष्ट्रीय मोहीम घाडोव्पक जाय . नवी दिल्लीत 'खेत बचाव अभियान'च्या तयारीसंदर्भात आयोजित उचा पावड्याच्या बसके वेळार त्ये उलयतले. बसकेंवेल्लर तानी म्हटला कि साज़ाचो संतुलित आणि विवेकपूर्ण वापर, हवामानाची आव्हाना लक्षात घेऊन शेतकऱ्यांक वेळर सल्लो दिवप , पंचायत स्तराचेर सक्रिय सहभाग आणि योजनांचे लाव थेट गावांमरेन पावोपाचेर या मोहिमेचो भर आसतलो अश्ये तानी मुखार सांगला .

## ओम बिरला

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला हाणी आयज हिंदी पत्रकारिता दिसा निमतान हिंदी भाषेक समर्पित पत्रकार, लेखक आणि संबंधीताक शुभेच्छा दिल्यात .सोशल मीडियावयल्या एका पोस्टत श्री. बिरला हाणी म्हटला की, हिंदी पत्रकारितेन भोवशिक जाणीव जागृत करपाखातीर , लोकशाय घतटमुठ करपाखातीर आणि लोकांच्यो भावना प्रतिबिंबित करपाखातीर एक प्रभावी माध्यम म्हणून काम केला .

## अश्विनी वैष्णव

इलॅक्ट्रॉनीक आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज ग्रेटर नोयदाच्या सूरजपूरांतल्या लोहम प्रकल्पाक भेट दिली. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें की जायत्या आधुनीक तंत्रगिन्यानांत लिथियम बॅटरी आनी कायमस्वरूपी चुंबकांची म्हत्वाची भुमिका आसा. आनी हें भारतांत तयार करचें आनी ताचें तंत्रज्ञान देशांत विकसीत करचें अशी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो दृश्टीकोन आसा. ह्या दृश्टीकोना प्रमाण LOHUM नांवाच्या उदेत्या स्टार्टअपान एक जटिल तंत्रगिन्यान येसस्वीपणान तयार केलां अशें तांणी सांगलें.

**कालोवणी**

आकाशवाणी पणजी  केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां  विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक  1 जून 2026 आसा.

**क्रिकेट**

बायला  क्रिकेट सर्तींत  आयज ब्रिस्टल हांगा  दुसऱ्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय खेळांत  भारताचो  सामनो यजमान इंग्लंड कडेन जातलो . हो  सामनो भारतीय वेळेप्रमाण साजे ७ वरांचेर सुरू जातलो.. बेरेस्तारा चेम्सफोर्ड हांगा  झाल्या सलामीच्या सामन्यात ३८ धावडयानी दणदणीत जैत मेळया उपरांत  भारतान मालिकेत १-० अशी आघाडी मेळयल्या.

**हवामान**

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अस्तंत उत्तर प्रदेश, बिहार, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला.तशेंच हरियाणा, पंजाब, दिल्ली, राजस्थान, विदर्भा, छत्तीसगड हांचेर गाराच्या वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला आसाम,